**नाविकांक कळोवणी**

ता. 24 ऑक्टोबर 2025

25 ऑक्टोबर 2025 दिसा सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच, सांजेची 4.30 ते 6.00 वरा मजगती मिरामार बीच, विज्ञान केंद्रा सामकार आनी 26 ऑक्टोबर 2025 दिसा सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच वाठारांत पेंवपा प्रशिक्षण सत्र आयोजीत केला. ते खातीर वयल्या न्हंय/दर्या वाठारांत येरादारी करपी सगळ्यों बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा प्रशिक्षणाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/833

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.